# शिरगांव जात्रेनिमतान येरादारी आनी पार्किंग वेवस्था

ता. 17 एप्रिल 2026

शिरगांवचे लयराई देवीच्या जात्रेच्या फांटभुंयेर येरादारी विभागान येरादारी आनी पार्किंग वेवस्था केल्या. 21 एप्रिल दिसा जात्रा आनी 22 ते 25 एप्रिल मेरेन कौल जातलो.

लयराई देवीच्या जात्रे खातीर थिवी वटेच्यान येवपी कार आनी दोन चाकी वाहनां अस्नोडा हांगा नव्या बायपास रस्त्यान पार्किंग करपा खातीर वळोवपात येतली. थिवी वटेच्यान येवपी बसी अस्नोडा बस स्टॅण्डा वयल्यान पार्किंगे खातीर मुळगांवां शिंपणावळ खात्याच्या उकत्या मैदानाचेर धाडटले. दिवचल, साखळी, वाळपय वटेच्यान येवपी बसी, कार आनी दोन चाकी वाहनां पैरा हांगा वळोवन शिरगांवां लयराई देवीच्या देवळा फाटल्या, साळगांवकर आनी चौगुले खण सुवातेत पार्किंग करपाक धाडटले.

लयराई देवीच्या जात्रेक वाहनां घेवन येवपी सगळ्या वाहनधारकांनी वयल्या वेवस्थेची नोंद घेवन आपलो येरादारीचो मार्ग थारावचो आनी सुरळीत येरादारी खातीर येरादारी विभागाक सहकार्य करचे.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/262

--

-------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.